## 14 एप्रिलाक डॉ. बाबासाहेब आंबेडकर जयंती

ता. 9 एप्रिल 2021

भारतीय घटनेचे शिल्पकार भारतरत्न डॉ. बाबासाहेब आंबेडकर हांची 130 वी जयंती ता. 14 एप्रिल 2021 दिसा मनयतले. राज्य पावंड्यावयलो मुखेल कार्यक्रम पणजेच्या कदंब बसस्टॅण्डालागीच्या डॉ. आंबेडकर पार्कात सकाळी 10.30 वरांचेर जातलो. कार्यक्रमात मानादीक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आनी हेर मानेस्त डॉ. बाबासाहेब आंबेडकरांच्या पुतळ्याक फुलांहार घालतले.

ह्या वर्सा देशांत कोवीड म्हामारीची परिस्थिती आशिल्ल्यान सरकारान लागू केल्ल्या मार्गदर्शक तत्वांक पाळो दिवन हो कार्यक्रम जातलो. त्या खातीर  चडांचड 50 लोकांच्या उपस्थितीत पुतळ्याक फुलांहार घालपाचो कार्यक्रम जातलो.

मजगतीं, कोवीड म्हामारीच्या परिस्थितीक लागून संघटनांनी भौशीक कार्यक्रमाचे आयोजन करचे न्हय, अशें समाज कल्याण खात्यावतीन मागला.

, म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/393

Issued by:
Department of Information and Publicity
Government of Goa